# नव्या झुआरी पुलाचो एलएचएस 4 लेन येरादारी खातीर उक्तो आसतलो

पणजी, 20 डिसेंबर 2023

राष्ट्रीय म्हामार्ग, एनएच-66 च्या नव्या झुआरी पुलाचो पुराय जाल्लो लेफ्ट हॅण्ड सायड 4 लेन कॉरिडॉर 24 डिसेंबर 2023 सावन सकाळीं 10.00 वरांचेर वाहनांच्या येरादारी खातीर उक्तो करतले, 12 टन वजनाच्या हलक्या दोन अ‍ॅक्सल वाहनांच्या येरादारी खातीर पोरणो जुवारी पूल पणजी वटेनच्यान मडगांव वटेन वन वे आसतलो. 12 टना परस चड वजनाच्या अवजड वाहनां सयत सगल्या प्रकारच्या वाहनां खातीर नवो जुवारी पूल एलएचएस पणजी वटेनच्यान मडगांव वटेन वन वे आसतलो. 12 टना परस चड वजनाच्या अवजड वाहनां सयत सगल्या प्रकारच्या वाहनां खातीर नवो जुवारी पूल आरएचएस मडगांव वटेनच्यान पणजी वटेन वन वे आसतलो अशी माहिती भौशीक बांदकाम खात्यान दिल्या..

पोरण्या जुवारी पुलाचेर 12 टना परस चड वजनाच्या अवजड वाहनांच्या प्रवेशाचेर निर्बंध आसतलो, ते खातीर पोरण्या पुलाच्या आगाशी वटेन "हायट –बॅरीयर" उबारल्या.

डीआय/एनबी/पीएन/एसएफ/यूएच/2023/

--

--------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.